**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ____________________________

   (Name) ________________________________

2. (Signature) ____________________________

   (Name) ________________________________

OMR Sheet No. : ........................................

(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | | |

(In figures as per admission card)

Roll No.________________________________

(In words)

**D-8509**

**Test Booklet No.**

Time : **1 1/4** hours]

# PAPER-II
# KONKANI

[Maximum Marks : **100**

Number of Pages in this Booklet : **16**

Number of Questions in this Booklet : **50**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of fifty multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the Test Booklet Number should be entered in the OMR Sheet and the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the oval as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** (A) (B) ● (D)
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **Answer Sheet given inside the Paper I Booklet only.** If you mark at any place other than in the ovals in the Answer Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your name or put any mark on any part of the test booklet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and OMR Answer sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **Negative Marking :- For each incorrect answer, 0.5 marks shall be deducted.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. पहले पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचास बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   (iii) इस जाँच के बाद प्रश्न-पुस्तिका की क्रम संख्या OMR पत्रक पर अंकित करें और OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के दीर्घवृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   **उदाहरण :** (A) (B) ● (D)
   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पत्र I के अन्दर दिये गये उत्तर-पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप उत्तर पत्रक पर दिये गये दीर्घवृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप उत्तर-पुस्तिका पर अपना नाम या ऐसा कोई भी निशान जिससे आपकी पहचान हो सके, किसी भी भाग पर दर्शाते या अंकित करते हैं तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित कर दिये जायेंगे ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं OMR उत्तर-पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पैन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **नेगेटिव अंक प्रणाली : प्रत्येक गलत उत्तर के लिए 0.5 अंक काटे जाएँगे ।**

**KONKANI**
**कोंकणी**
**Paper – II**
**प्रश्नपत्र – II**

**Note :** This paper contains **fifty (50)** objective type questions, each question carrying **two (2)** marks. Attempt **all** the questions.

**सुचोवणी :** हें प्रस्नपत्र **शंबर (100)** गुणांचें. हातूंत **पन्नास (50)** भौपर्यायी प्रस्न आसात. दर एका प्रस्नाक **दोन (2)** गूण दवरल्यात. सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो दिवच्यो.

**1.** मों. दाल्गादांच्या कोशांत खंयचे कोंकणी बोलयेंतली उतरां घेतिल्ली मेळटात ?

(A) अंत्रुजी

(B) बार्देसी

(C) साश्टी

(D) मंगळुरी

**2.** पुण्ण हांतलो कोण आशिल्लो ?

(A) केरळांतलो कोंकणी संत

(B) जैन मुनी

(C) बुद्धायो पट्ट शिश्य

(D) सुफी संत

**3.** पाश्चात्य काव्यशास्त्रांत मूल्य सिद्धांत कोणें मांडला ?

(A) एरिस्टॉटल

(B) रिचर्ड्स

(C) इलियट

(D) लाँजाइनस

**4.** हांतले खंयचे नादा-जोडयेंतलें वेगळेपण नाद-पट्टयांच्या अवस्थांचेर आधारिल्लें आसा ?

(A) त् आनी थ्

(B) त् आनी ट्

(C) त् आनी द्

(D) त् आनी न्

5. अभ्यास विशय आनी अभ्यासक हांच्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | लोकवेद | 5. | थॉमस स्टीफन्स |
| 2. | व्याकरण | 6. | रॉकी मिरांद |
| 3. | पोरणें कोंकणी साहित्य | 7. | श्रीपाद रघुनाथ देसाय |
| 4. | कोश | 8. | तानाजी हळर्णकार |
| | | 9. | श्याम वेरेंकार |

(A) 1 – 9, 2 – 5, 3 – 6, 4 – 7

(B) 1 – 9, 2 – 6, 3 – 5, 4 – 7

(C) 1 – 6, 2 – 5, 3 – 7, 4 – 8

(D) 1 – 8, 2 – 6, 3 – 5, 4 – 7

6. हांतलें खंयचें विधान बरोबर ?

(A) अभिव्यंजनावाद म्हळ्यार सहजज्ञानसिद्धांत

(B) अभिव्यंजनावाद म्हळ्यार अनुकरणवाद

(C) अभिव्यंजनावाद म्हळ्यार अस्तित्ववाद

(D) अभिव्यंजनावाद म्हळ्यार अभिजातवाद

7. हांतल्या खंयच्या भासविज्ञानिकान भासविज्ञानांत व्युत्पादक व्याकरणाचें पर्व सुरू केलें ?

(A) फेर्दिनां द सोस्यूर

(B) नोअम च्यॉमस्की

(C) लेनर्ड ब्लूमफिल्ड

(D) रोमान याकॉप्सन

8. 'प्रस्नां'तल्या पावणीकारान कित्याची पावणी करपाचें थारायलां ?

(A) देवाल्या भांगराची

(B) देवाल्या कपडयांची

(C) मनीसपणाची

(D) माटवांतल्या वस्तूंची

9. हांतल्या कोणें इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश शब्दकोश रचला ?

(A) पाद्री माफेय

(B) गुरुनाथ केळेकार

(C) मनोहरराय सरदेसाय

(D) मों. दाल्गाद

10. कवितेच्यो वळी आनी कवी हांच्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | आयलां थंय स्वातंत्र्य तें<br>स्वातंत्र्य न्हय स्वातंत्र्य न्हय | 5. | मनोहरराय सरदेसाय |
| 2. | आयज तूं / येतलो देखून....<br>पोरसां चांफ्यार / फुलांच फुला | 6. | रमेश वेकुस्कार |
| 3. | तुज्या दोळ्यांत मोरपाखां<br>म्हज्या दोळ्यांत मोरपाखां | 7. | बाकीबाब बोरकार |
| 4. | बिरि-बिरी पावस, सुटका तुका दितलो<br>हय, बिरि-बिरी पावस... | 8. | र.वि. पंडित |
| | | 9. | चा.फ्रा. देकोस्ता |

(A) 1 – 5, 2 – 8, 3 – 6, 4 – 7

(B) 1 – 7, 2 – 5, 3 – 9, 4 – 6

(C) 1 – 7, 2 – 8, 3 – 6, 4 – 9

(D) 1 – 5, 2 – 9, 3 – 6, 4 – 7

11. सकल दिल्ल्या विधाना खातीर फावो तो पर्याय खंयचो ? 1946 च्या 18 जूना सावन कोंकणी संग्राम-गितांक आनी क्रांती-गितांक हुंवार आयलो, कित्याक,

(A) कोंकणी कविता सगळ्या आंगांनी फुलोवयाचें कोंकणी कवींनी व्रत घेतलें.

(B) कवी मनोहरराय सरदेसाय हांणी 'अठरा जून' ही कविता रचली.

(C) त्या दिसा राम मनोहर लोहियांनी गोंयचेर चार शतमानां परस चड चलत आयिल्ले पुर्तुगेज सत्तेचेर पयलो धपको घालो.

(D) मुंबय आकाशवाणी वयल्यान कोंकणी कार्यावळीचें वितरण जावंक लागलें.

**12.** हांतलें खंयचें उतर कोंकणींत पुर्तुगेजींतल्यान येवंक ना ?

(A) कातकिसांव

(B) ओब्रिगासांव

(C) मालहिसांव

(D) कुरासांव

**13.** 'श्री भगवंतान गायिल्लें गीत' हें कसले तरेचें पुस्तक ?

(A) भगवद्गीतेच्या कोंकणी अणकारांचेर केल्लें समिक्षात्मक बरप

(B) भगवद्गीतेचेर केलें चिंतनशील बरप

(C) भगवद्गीतेचो पद्य कोंकणी अणकार

(D) अन्वय आनी अर्थावणी दिवन केल्लें गीतेचें समश्लोकी अणकारीत पुस्तक

**14.** हातूंतलें खंयचें विधान बरोबर ?

(A) 'दोवा थेंब्यांत' कवितेंत दंवा थेंब्यांत कवीक मळब दिसता.

(B) 'दोवा थेंब्यांत' कवितेंत दंवा थेंब्यांत कवीक सैम दिसता.

(C) 'दोवा थेंब्यांत' कवितेंत दंवा थेंब्यांत कवीक दर्या दिसता.

(D) 'दोवा थेंब्यांत' कवितेंत दंवा थेंब्यांत कवीक दु:ख दिसता.

**15.** 'अमर कोंकणी' नेमाळें खंयची संस्था उजवाडा हाडटा ?

(A) तॉमास स्टीफन्स कोंकणी केन्द्र

(B) कर्नाटक कोंकणी अकादमी

(C) कोंकणी संस्थो, सेंट एलॉयशस कॉलेज

(D) केरळ कोंकणी अकादमी

16. जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | कारेल प्रिक्रील | 5. | गद्यकार |
| 2. | गाश्पार द सां मिगेल | 6. | कवी |
| 3. | जुआंव आगोश्तीन्यु फेर्नांदीस | 7. | कोशकार |
| 4. | दियोगु द आमाराल | 8. | तियात्रिश्त |
| | | 9. | व्याकरणकार |

(A) 1 – 7, 2 – 5, 3 – 8, 4 – 9

(B) 1 – 9, 2 – 5, 3 – 8, 4 – 7

(C) 1 – 6, 2 – 9, 3 – 6, 4 – 7

(D) 1 – 7, 2 – 6, 3 – 5, 4 – 9

17. 'अळमीं' हें पुस्तक कसले तरेचें ?

(A) कथनात्मक साहित्याचें

(B) चरित्रात्मक बरपांचें

(C) निबंदांचें

(D) चिंतनात्मक बरपांचें

18. हातूंतलें खंयचें विधान चूक ?

(A) कोंकणी लोकवेदाच्या संशोधनाचें मुळावण मों. दाल्गाद हांणी घालें.

(B) कोंकणी लोकवेदाचेर शर्णे गोंयबाबान अप्रत्य रितीन कोंकणी लोकवेदाचो वावर केला.

(C) पांडुरंग फळदेसाय हांणी 'काणी काणी कोतवा' हें लोककथांचें संकलन केलां.

(D) आंतोनियु पेरैरा हांणी मांडो आनी देखणी गीतांचें संकलन केलां.

19. हांतलें खंयचें पुस्तक चा.फ्रा. डि कॉस्ता हांणी बरोवंक ना ?

(A) सोंशाचे कान

(B) सुणें माजर हांसता

(C) मागीरचें मागीर

(D) अस्तमतेर

**20.** ‘रमणीयार्थप्रतिपादक: काव्यम्’ हें सूत्र

(A) आचार्य वामन हांणी दिलां.

(B) आचार्य कुंतक हांणी दिलां.

(C) आचार्य जगन्नाथ हांणी दिलां.

(D) आचार्य विश्‍वनाथ हांणी दिलां.

**21.** वाक्‌प्रचारांचो अर्थाचे नदरेन मेळ घालून जोडयो लायात

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | उजरावन काडप | 5. | खूब मारप |
| 2. | तेफळां फोडप | 6. | चोरप |
| 3. | हात मारप | 7. | फटी मारप |
| 4. | फोव घालप | 8. | निवळ करप |
| | | 9. | खूब तापोवप |

(A) 1 – 8, 2 – 9, 3 – 6, 4 – 5

(B) 1 – 9, 2 – 7, 3 – 6, 4 – 5

(C) 1 – 9, 2 – 7, 3 – 5, 4 – 6

(D) 1 – 8, 2 – 9, 3 – 5, 4 – 6

**22.** कोंकणींत ‘रामचरितमानस’ ह्या पुस्तकाचो अणकार कोणें केला ?

(A) आर्. के. राव

(B) के. अनंत पै

(C) के. अनंत भट

(D) सुरेश आमोणकार

**23.** तुलनात्मक वांग्मयविदयेचो अभ्यास करपी पयले भारतीय विद्‌वान कोण ?

(A) सुनीतिकुमार चटर्जी

(B) आय.जे.एस्. तारापोरवाला

(C) रामकृष्ण गोपाळ भांडारकर

(D) ना.गो.कालेलकर

24. मोरुलो हो लोकनाचाचो प्रकार खंयच्या तालुक्यांनी आसा ?

(A) सत्तरी आनी पेडणें

(B) पेडणें आनी बार्देस

(C) सांगें आनी पेडणें

(D) सांगें आनी सत्तरी

25. बाल साहित्या खातीर हांतल्या कोणाक पुरस्कार मेळ्ळा ?

(A) नयना आडारकार

(B) एल्. सुनिताबाय

(C) प्रशांती तळपणकार

(D) कोणाकूच मेळूंक ना

26. सकल दिल्ल्या विधानां संबंदान योग्य पर्याय वेंचून काडात.

1. 'आब्रांवाचें यज्ञदान' लुवीस मास्कारेन्हस हांणी बरयलां.

2. 'समर्पण' कादंबरी दिलीप बोरकार हांणी बरयल्या.

(A) 1 आनी 2, दोनूय चूक

(B) 1 आनी 2, दोनूय बरोबर

(C) 1 बरोबर आनी 2 चूक

(D) 1 चूक आनी 2 बरोबर

27. 'बाह्मण' ही लक्ष्मणराव सरदेसाय हांणी अणकारिल्ली कादंबरी मूळ खंयचे भार्शेत आशिल्ली ?

(A) फ्रँच

(B) पुर्तुगेज

(C) इंग्लीश

(D) संस्कृत

**28.** हांतलें खंयचें विधान चूक ?

(A) कोंकणींत वाक्याच्या पांवड्याचेर सुरांचो फरक म्हत्वाचो.

(B) कोंकणींत उतराच्या पांवड्याचेर सुरांचो फरक म्हत्वाचो.

(C) चिनी भाशेंत वाक्याच्या पांवड्याचेर सुरांचो फरक म्हत्वाचो.

(D) चिनी भाशेंत उतराच्या पांवड्याचेर सुरांचो फरक म्हत्वाचो.

**29.** कोंकणी भक्ती साहित्य खंय अदीक फुलून आयलें ?

(A) मंगळूरांत

(B) केरळात

(C) गोंयांत

(D) महाराष्ट्रांत

**30.** 'घरजांवय' ह्या उतराचो समास खंयचो ?

(A) द्वंद्व

(B) बहुब्रिही

(C) संबंधी तत्पुरुष

(D) द्विगु

**31.** जोडयो लायात

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | विल्यम लॅबण्ह | 5. | भाशीक सापेक्षतायेचो सिद्धांत |
| 2. | डॅल हायम्स | 6. | भारत : भाशीक-वाटार |
| 3. | मरे एमनो | 7. | भारतीय भाशा सर्वेक्षण |
| 4. | बॅंजमिन ली वोर्फ | 8. | न्यू यॉर्क शारांतले इंग्लीशीचो समाजभास विज्ञानीक अभ्यास |
| | | 9. | भाशेच्या वापराच्या गिन्यानाचेर वावर |

(A) 1 – 9, 2 – 8, 3 – 6, 4 – 5

(B) 1 – 8, 2 – 9, 3 – 7, 4 – 6

(C) 1 – 7, 2 – 8, 3 – 5 ,4 – 6

(D) 1 – 8, 2 – 9, 3 – 6, 4 – 5

**32.** सकल दिल्ल्या विधानां संबंदान योग्य पर्याय वेंचून काडात

1. लोंजाइनस आपल्या काळांतलो क्रांतिकारी विचारक.
2. मूल्य आनी संप्रेशण हो टी. एस्. इलियट हांणी दिल्लो सिद्धांत

(A) 1 चूक, 2 बरोबर

(B) 1 आनी 2, दोनूय चूक

(C) 1 बरोबर, 2 चूक

(D) 1 आनी 2, दोनूय बरोबर

**33.** हांतलीं खंयचीं पात्रां शणै गोंयबाबांल्या 'पोवनांचें तपलें' नाटकांतलीं ?

(A) लालुबाब, सांवळो

(B) तातुबाब, फुलगें

(C) लालुबाब, फुलगें

(D) घारुदाद, सांवळो

**34.** हांतलें खंयचें तियात्र टॉमाझीन कार्दोज हांणी बरोवंक ना ?

(A) समाजसेवा

(B) गोवा गोइंग गॉन...

(C) एकूच रस्तो

(D) झगझगता तितलेंय भांगर न्हय

**35.** कादंबरी आनी कादंबरीकार हांच्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | क्रिस्तांव घराबो | 5. | अशोक कामत |
| 2. | युगसांवार | 6. | रत्नाकर राव |
| 3. | घणाघाय नियतीचे | 7. | वी.जे.पी. साल्दाना |
| 4. | अंजनी | 8. | ब्रून द सौजा |
| | | 9. | महाबळेश्वर सैल |

(A) 1 – 8, 2 – 9, 3 – 5, 4 – 6

(B) 1 – 8, 2 – 9, 3 – 6, 4 – 5

(C) 1 – 7, 2 – 5, 3 – 6, 4 – 9

(D) 1 – 7, 2 – 8, 3 – 5, 4 – 6

36. हांतलें खंयचें विधान बरोबर ?

(A) फादर माफेय पुर्तुगेज भाशीक आशिल्ले आनी
तांणी कोंकणीचें पुर्तुगेज भाशेंत व्याकरण बरयल्लें.

(B) फादर माफेय पुर्तुगेज भाशीक अशिल्ले आनी
तांणी कोंकणीचें लातीन भाशेंत व्याकरण बरयल्लें.

(C) फादर माफेय इतालियान भाशीक आशिल्ले आनी
तांणी कोंकणीचें इतालियान भाशेंत व्याकरण बरयल्लें.

(D) फादर माफेय इतालियान भाशीक आशिल्ले आनी
तांणी कोंकणीचें इंग्लीश भाशेंत व्याकरण बरयल्लें.

37. भाशेच्या खंयच्याय एका काकांतल्या वर्णनाच्या आधारान भाशेच्या इतिहासाचो थाव घेवपी इतिहासीक भास विज्ञानाची रीत खंयची ?

(A) तुलनात्मक पद्दत

(B) एकभाशीक पुनर्र्चणूक

(C) भाशीक भुगोल

(D) भाशीक काकनिर्णय

38. हांतल्या कोणें 'कोंकणी नादशास्त्र' ह्या माथाळ्याचें रोमी लिपयेंत कोंकणी बरोवपाची रीत स्पष्ट करपी पुस्तक बरयलां ?

(A) एदुआर्द जुझे ब्रून द सौज

(B) शणै गोंयबाब

(C) ज्योकीं आंतोनियु फेर्नांदीस

(D) मॅथ्यू आल्मैदा

39. भारतीय भाषा संस्थान, मैसूरचो पुरस्कार खंयच्या कोकणी साहित्यकाराक मेळ्ळा ?

(A) पुंडलीक नायक

(B) दामोदर मावजो

(C) रवीन्द्र केळेकार

(D) मनोहरराय सरदेसाय

40. 'जांची आवयभास कोंकणी तांणी तिचे कडेन तिरस्कारान पळोवपायें सोडून दिवन तिका वयर काडपाच्या कामाक लागयें' हो उलो मारपी पयलो-वयलो कोण आशिल्लो ?

(A) मों. दाल्गाद

(B) थॉमस स्टीफन्स

(C) शणै गोंयबाब

(D) कून्य रिव्हार

41. जोडयो लायात

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | (गायचो) पाडो, (वायट) पाडो | 5. | भोवअर्थी उतरां |
| 2. | वाज, उबगण | 6. | वांकडया अर्थाचीं उतरां |
| 3. | हून, थंड | 7. | एकनामी उतरां |
| 4. | (मनशाचो) दोळो, (नाल्लाचो) दोळो | 8. | विरोधार्थी उतरां |
| | | 9. | समानार्थी उतरां |

(A) 1 – 7, 2 – 9, 3 – 8, 4 – 5

(B) 1 – 6, 2 – 9, 3 – 8, 4 – 7

(C) 1 – 7, 2 – 5, 3 – 6, 4 – 9

(D) 1 – 6, 2 – 7, 3 – 8, 4 – 5

42. हांतलें खंयचें पुस्तक यशवंत पालेकार हांणी कोंकणी भाशेंत अणकारीत केलां ?

(A) चवकी

(B) मातयेचो मोग

(C) दोन दंगाळी भात

(D) सात पावलां मळबांत

43. कोंकणी परिशदेचें पयलें अधिवेशन खंयच्या वर्सा आनी खंय भरिल्लें ?

(A) 1942 वर्सा, मुंबय

(B) 1939 वर्सा, गोंयां

(C) 1939 वर्सा, कारवार

(D) 1942 वर्सा, मंगळूर

44. 'सात लाख गोंयकार आमी

युग नवें फुलयतले

अंदल्यात मंत्र जिवीं

ते फाल्यां उलयतले...'

ही कविता रचपी कोण ?

(A) बाकीबाब बोरकार

(B) मनोहरराय सरदेसाय

(C) बयाभाव

(D) शणै गोंयबाब

45. शणै गोंयबाबांल्या मत्तान, कोंकणी बरोवप्यांनी परक्या भासांतल्या पुस्तकांचीं रूपांतरां करतना

(A) तीं मूळ खंयच्या पुस्तकांचीं तें वाचप्यांक कळूंक दिवचें न्हय.

(B) मूळ बरपांतल्या चाली-रितींक बाधा येवंक दिवची न्हय.

(C) ह्या पुस्तकांक पांयांच्या नाखटां पसून माथ्या वयल्या केसां मेरेन कोंकणी भेस घालून तीं सामकींच निजाचीं कोंकणी कुरून सोडचीं.

(D) परक्या भासांतल्या उतरांक सोब सारकीं नीज कोंकणी उतरां, उतराक उतर ह्या न्यायान सोदून काडचीं.

सकल दिल्ली कविता वाचून ते उपरांत दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरोवच्यो.

कालच्यो राती, फायचे दीस / हांचे मदीं – मदले आमी

न्हय भाटकार, न्हय मुंडकार / न्हय घरकार, न्हय शेतकार

न्हय घरकार, न्हय शेतकार / न्हय वासरेंत, न्हय रस्त्यार

न्हय शागीर्द, न्हय स्वामी / असले आमी – महले आमी

आमकां नांगर धरूंक येना / आमकां माडार चडूंक येना
आमकां चुडीत मोडूंक येना / आमकां जळव फोडूंक येना
रोवंक येना, लुवंक येना / तासूंक येना कोंड्या कामी
असले आमी – मदले आमी

सोंपलें भात, सोंप्यार सूप / मोडलें दार, खिळ्याक कुलूप
काण गेलें, उल्लां खीण / बापायक फोल्ग, आमकां रीण
माचूल गेलें, मोटार ना / मानाय गेलो, शोफेर ना
रुमाल गेलो, चेपें ना / झल्लें जोतें, बूट ना
पिंजलें घोतर, सूट ना / पगा-घुलो फुटून गेल्यो
खेकूंक येना ब्रीज-रमी / असले आमी-मदले आमी

मनशा मुखार बागूंक येना / देवा मुखार नाचूंक येना
न्हय देंवचार न्हय जल्मी / असले आमी – मदले आमी

हात मुखार करूंक येना / पांय कशेच चाटूंक येना
खोंट कोणाक हाणूंक येना / नावाडग्याच्या नश्टेपणाक
करूंक येना नखलामी / असले आमी – मदले आमी

पासो मोखून शेणूंक येना / मोगा-उज्यांत जळूंक येना
रडूंक येना, रडोवंक येना / हांसूंक येना, हांसोवंक येना
मारूंक येना, मरूंक येना / शेळेंहून रगत जाला
जिरून जेल्या खुमखुमी / असले आमी – मदले आमी

**46.** ही कविता कोणें रचल्या ?

(A) बाकीबाब बोरकार

(B) मनोहरराय सरदेसाय

(C) नागेश करमली

(D) पुंडलीक नायक

**47.** ‘काण गेलें, उल्लां खीण’ है वळींतलें ‘काण’ उतर कित्याक उद्देशून आसा ?

(A) भाताचें काणप

(B) मुसळ

(C) उसाचें काण

(D) दादल्यांनी धालचेलो एक अळंकार

**48.** ‘रमाल गेलो, चेपें ना / झल्लें जातें, बूट ना / पिंजलें धोतर, सूट ना’ ह्यो वळी कित्या संबंदान आसात ?

(A) आदली आनी नवी न्हेसपाची तरा

(B) वसणूकवादी आनी थळावी जिणे पद्दत

(C) महाराष्ट्री आनी पुर्तुगेज जिणे पद्दत

(D) शारांतली आनी गांवांतली जियेवपाची रीत

**49.** आमकां अन्याया आड उसळूंक येना हें खंयच्यो वळी स्पश्ट करतात ?

(A) ‘आमकां चुडीत मोडूंक येना / आमकां जळव फोडूंक येना’

(B) ‘मनसा मुखार बागूंक येना / देवा मुखार नाचूंक येना’

(C) ‘पांय कशेच चाटूंक येना / खोंट कोणाक हाणूंक येना’

(D) ‘नावाडग्याच्या नश्टेपणाक / करूंक येना नखलामी’

**50.** हे कवितेचो विशय कसलो ?

(A) राजकी

(B) इतिहासीक

(C) समाजीक

(D) नैतीक

**Space For Rough Work**